भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# दानीएल आनी शींवांची गुफा

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

दारयस हो बाबिलोनाचो नवो राजा. तो हुशार आशिल्लो. ताणें आपल्या राज्यांतल्या शंबर वीस उत्कृश्ट लोकांक वेंचून काडले आनी ताका राज्य करपाक आदार केलो. मागीर तातूंतल्या तीन जाणांक ताणें प्रभारी म्हणून वेंचून काडले.



राजा दारयसान दानीएलाक इतलो मान दिलो, ताणें ताका पुराय राज्याचो राज्यकर्तो करपाचो विचार केलो.



हेर फुडाऱ्यांक दुस्वास जालो. दानीएलांत दोश सोदून काडपाची तांणी येवजण आंखली, जाका लागून दानीएलाक राजा कडेन त्रास जावंक शकतले.



कितलोय यतन केलो तरी ह्या फुडाऱ्यांक दानीएलाचेर वायट कांयच मेळ्ळें ना. दानीएल आपल्या सगळ्या वावरांत राजाक खरेपणान वागतालो. तशेंच तो सावधान आनी हुशार आशिल्लो, आनी सदांच सगळें आपल्याक शक्य तितले बरे तरेन करतालो.



दुस्वास करपी फुडाऱ्यांक कळ्ळें की तांकां दानीएलाक सापडपाक एकूच मार्ग आसा. ताका इज्रायलाच्या देवाची उपासना करपाक धर्तरेचेर कांयच आडावचें ना हें तांकां खबर आशिल्लें.






दानीएलाच्या दुस्मानांनी एक येवजण आंखली. तांणी राजाक सय करपा खातीर नवो कायदो केलो. सगळयांनी फकत दारयस राजाक मागणें करचें अशें कायद्यांत म्हळां. कोणाकय आदन्या मोडल्यार शींवांच्या गुफात उडयतले!

राजा दारयस हाणें नव्या कायद्याचेर सय केली.



नव्या कायद्यान दानीएलाक कसलोच फरक पडलो ना. तो सदांच करता तेंच करतालो. तो दिसांतल्यान तीन फावटीं आपल्या उक्त्या जनेला कडेन येवन सर्गाच्या देवा कडेन मागणें करतालो.







दुस्वास करपी फुडारी
राजाक सांगपाक
धांवले. दारियस
राजाक दानीएलाक
धरपा बगर दुसरो
पर्याय नाशिल्लो.
कायदो पाळचो
पडलो. दानीएलाक
मरण येवचें पडलें.
राजान खूब यतन
केलो, पूण कायदो
बदलपाक ताका मार्ग
मेळ्ळो ना.

दानीएलाक शींवांच्या गुफात घालून मरणाची ख्यास्त फर्मायली. दानीएलाक उपाशी शींवांक उडयचे आदीं राजा दारयसान ताका म्हणलें, “तुजो देव, जाची तूं सतान सेवा करता, तो तुका सोडयतलो!”



राजाक त्या राती न्हीद ना. दुसऱ्या दिसा सकाळीं सामके बेगीन तो परतून शींवांच्या खड्ड्यांत धांवलो.





राजा दारयसान
मोठ्यान म्हळे, “जिव्या
देवाचो सेवक दानीएल,
तुजो देव, जाची तुमी
सतान सेवा करतात,
तो तुका शींवांतल्यान
सोडोवंक पावला
काय?” घडये ताका
जाप मेळटली अशी
अपेक्षा नाशिल्ली.
पूण दानीएलान
जाप दिली!

दानीएलान
आवाज काडलो,
“हे राजा, म्हज्या
देवान आपलो देवदूत
धाडून शींवांचे तोंड
बंद केलें, जाका लागून
तांणी म्हाका दुख्ख
दिवंक ना! आनी
तशेंच, हे राजा,
हांवें तुज्या मुखार
कसलेंच वायट
केल्लें ना.”



राजा दारयस खोशी जालो! ताणें दानीएलाक खड्ड्यांतल्यान भायर काडपाचो आदेश दिलो.



देवान दानीएलाक सोडयलो आनी दानीएलाचे दुस्मान देवाचे दुस्मान आसात हें राजाक कळ्ळें. ताणें एक आदन्या दिली आनी ताका फटोवन वायट कायद्याचेर सय केल्ल्या सगळयांक शींवांच्या गुफात उडयले. शींवांनी तांकां खाल्लें.



सर्गाच्या देवान आपल्या विस्वासू सेवक दानीएलाची राखण केल्या हें संवसाराक कळचें अशें राजा दारयसाक दिसलें. राजान एक पत्र बरयलें, तातूंत सगळ्यांक जिव्या देवाची पुजा करपाची आदन्या दिली. आनी राजान दानीएलाक परतून मान आनी
फुडारपण मेळयलो.



# दानीएल आनी शींवांची गुफा

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

दानीएल ६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16